Panaji National 23rd February 2025 8.40am

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणी वेल्या 'मन की बात' कार्यावळीं वरवीं देश विदेशांतल्या लोकां कडेन संवाद सादतले.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सावन मध्य प्रदेश, बिहार, आसामच्या  तीन दिसांच्या भोंवडेर वतले.
- प्रत्येक व्यक्तीक ताच्या क्षमतेप्रमाण काम दिवप आणि प्रत्येक फामिलीक समृद्ध करपाखातीर देशाच्या विकासाकडेन जोडप हे फक्त सहकारी चळवळी वरवीं शक्य आसा अशें केंद्रीय सहकार मंत्री अमित शाह हाणी सांगलां.
- भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयाच्या शंबर दिसांच्या क्षयरोग मुक्त भारत मोहिमेक लागून देशभरांत पांच लाखां परस चड क्षयरोग दुयेंती सांपडल्यात.
- आयसीसी दादल्यांच्या चॅम्पियन्स ट्रॉफीच्या अ गटांत भारत आनी पाकिस्ताना आड खेळटलो. ही मॅच दुबयंत भारतीय वेळा प्रमाण दनपारां 2.30 वरांचेर सुरू जातली.
- बायलांच्या प्रिमियर लीग क्रिकेट सर्तींत काल बेंगळुरूंत युपी वॉरियर्सान दिल्ली कॅपिटल्साक 33 धांवड्यांनी हारयलो.

---------------------------------------

Maan Ki Baat

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणी वेल्या 'मन की बात' कार्यावळीं वरवीं देश विदेशांतल्या लोकां कडेन संवाद सादतले. हो ह्या म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो 119वो भाग आसतलो. आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाच्या पुराय नेटवर्काचेर, AIR News वेबसायटीचेर आनी न्यूजनेअर मोबायल ॲपाचेर हो कार्यक्रम प्रसारीत जातलो. तशेंच AIR News, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी

प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचे थेट प्रसारण जातले. हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडेंच आकाशवाणी प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतली.

----------------------------------------

PM MP Visit

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सावन मध्य प्रदेश, बिहार, आसामच्या तीन दिसांच्या भोंवडेर वतले. मध्य प्रदेशांतल्या छतरपूर जिल्हयांतल्या बागेश्वर धाम वैजकी आनी विज्ञान संशोधन संस्थेचो ते आयज बुन्याद घालतले. तशेंच प्रधानमंत्री मोदी भोपाळांत जावपी दोन दिसांच्या जागतीक गुंतवणूकदार शिखर सभेचें उक्तावण करतले.

प्रधानमंत्री फाल्या बिहारांतल्या भागलपूराक भेट दितले. पीएम किसान येवजणेचो एकुणिसावो हप्तो जारी करतले आनी बिहारांत वेगवेगळे उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण आनी सुरवात करतले. हाका लागून देशभरांतल्या 9 कोटी 7 लाखां परस चड शेतकारांक 21 हजार 500 कोटी रुपयां परस चड थेट फायदो मेळटलो.

प्रधानमंत्री मोदी झुमोईर बिनांदिनी कार्यावळी खातीर गुवाहाटीक भेट दितले. आसामांतल्या च्या उद्देग आनी उद्देगीकीकरणाक 200 वर्सां पुराय जाल्ल्याचो उगडास करपा खातीर ही कार्यावळ आयोजीत केल्या.

मंगळारा प्रधानमंत्री गुवाहाटींत ॲडव्हांटेज आसाम 2.0 इन्व्हेस्टमेंट आनी इन्फ्रास्ट्रक्चर समिटाचें उक्तावण करतले.

----------------------------------------

Amit Shah

प्रत्येक व्यक्तीक ताच्या क्षमतेप्रमाण काम दिवप आणि प्रत्येक फामिलीक समृद्ध करपाखातीर देशाच्या विकासाकडेन जोडप हे फक्त सहकारी चळवळी वरवीं शक्य आसा अशें केंद्रीय सहकार मंत्री अमित शाह हाणी सांगलां. केंद्राच्या यत्नांक लागून आनी सहकारी चळवळीक दिल्ल्या खाशेल्या प्रोत्साहनाक लागून फाटल्या तीन वर्सांत सहकारी क्षेत्राची नेटान वाड जाल्या.

पुण्यांत जनता सहकारी बँकेच्या प्लॅटिनम महोत्सव कार्यावळींत उलोवप करतना शाह हाणी सांगलें, मोदी सरकारान देशाच्या सहकारी क्षेत्राक नवो आयाम दिला. केंद्रीय नोंदणीकृत सहकारी संस्थाचें पयलें प्रादेशिक कार्यालय पुण्यांत सुरू जातलें अशें तांणी सांगलें. देशभरांतल्या सहकारी बँकांक अर्थीक अडचणींतल्यान भायर सरपाक मजत करपा खातीर अम्ब्रेला संघटना तयार केल्या आनी ही संस्था सगल्या सहकारी बँकांक घटमूट करपा खातीर वावुरतली अशें तांणी सांगलें. हाचे आदीं केंद्रीय गृहमंत्र्यांनी पुण्यांत अस्तंत विभागीय मंडळाचे 27वे बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळ्ळे. सहकारी बँकांनी आपल्या कार्यावळींत तंत्रगिन्यान आपणावपाचो उलो तांणी मारला. सहकारी क्षेत्रा संबंदीत शिक्षणाक चालना दिवपा खातीर सहकारी विद्यापीठ विधेयक हाडटले अशें तांणी सांगलें.

ह्या वेळार मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस, उपमुख्यमंत्री अजीत पवार आनी एकनाथ शिंदे, केंद्रीय नागरी विमानन राज्यमंत्री मुरली धर मोहोळ, उच्च आनी तंत्रीक शिक्षण राज्यमंत्री चंद्रकांत पाटील आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

----------------------------------------

Delhi Assembly

दिल्लीच्या आठव्या विधानसभेचे पयलें अधिवेशन सोमारा सावन जातलें. हें अधिवेशन तीन दीस चलतले. दिल्ली विधानसभेन एका अधिसुचोवणेंत म्हळां, सभाघरांतल्या नव्यान वेंचून आयिल्ल्या वांगड्यांक अधिवेशनाच्या पयल्या दिसा सोपूत दितले. विधानसभेच्या अध्यक्षाचीय वेंचणूक त्याच दिसा जातली. अधिवेशनाच्या दुसऱ्या दिसा दिल्लीचे नायब राज्यपाल विनय कुमार सक्सेना विधानसभेंत उलोवप करतले आनी फाटल्या सरकाराच्या कामा संबंदीत कॅग अहवालूय सादर करतले. मजगतीं, दिल्ली नायब राज्यपाल विनय कुमार सक्सेना हाणी आमदार अरविंदर सिंग लवली हांची प्रो टेम स्पीकर म्हणून नेमणूक केल्या. सिंग नव्यान वेंचून आयिल्ल्या आमदारांक सोपूत दितले.

----------------------------------------

VP

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर हाणी विद्यार्थ्यांनी आपली तांक वापरून देशाचे प्रगतींत योगदान दिवचें असो उलो मारला. धनखर हाणी काल महाराष्ट्रांत डॉ.बाबासाहेब आंबेडकर मराठवाडा विद्यापिठाच्या 65व्या दीक्षांत समारोहांत उलोवप करतना अर्थवेवस्था आनी तंत्रगिन्यानाच्या मळार भारताची नेटान वाड जाल्ल्याचो उल्लेख केलो. भारत संवसारांतली तिसरी व्हडली अर्थवेवस्था जावपाचे वाटेर आसा आनी तरणाट्यां खातीर वेगवेगळ्या क्षेत्रांनी अमर्यादीत संदी उपलब्ध आसात हाजेर तांणी भर दिलो.

भारताची संवसारीक अर्थीक महाशक्त म्हूण उदय जाल्ल्याचो उल्लेख करून उपराष्ट्रपती हांणी सांगलें, संवसारांतले 15 टक्के अर्थीक वेव्हार भारतांत जातात, जें डिजिटल जोडणी, स्टार्टअप आनी नवनिर्माणाच्या बळग्याचें प्रतीक आसा.

----------------------------------------

TB

भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयाच्या शंबर दिसांच्या क्षयरोग मुक्त भारत मोहिमेक लागून देशभरांत पांच लाखां परस चड क्षयरोग दुयेंती सांपडल्यात. हे मोहिमेत वांटो घेवपी 455 जिल्ह्यांनी तीन लाख 57 हजारां वयर क्षयरोग दुयेंतीचें निदान जालां. भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयान सांगलां की, केशी सोदून काडपाचे यत्न बेगीन जाल्ल्यान, निदानांत कळाव उणो जाल्ल्यान, वखदां प्रतिरोधक केशी बेगीन वळखुपाक आनी उपचाराचे परिणाम सुदारून 10 कोटी परस चड दुबळ्या व्यक्तींची तपासणी केल्या. हे मोहिमेक लागून 10 लाख नि-क्षय शिवीरांनी आधुनीक क्षयरोग निदान साधनां लोकांच्या घरांक लागीं हाडपाक आदार केला. फुडें क्षयरोग सेवांचो पांवडो वाडोवपा खातीर, चड पयसुल्ल्या वाठारांनी कव्हरेज सुनिश्चीत करपा खातीर 836 नि-क्षय वाहन वापरल्यात. ही मोहीम सुरू जाले उपरांत 2.4 लाखां वयर नि-क्षय मित्रांनीय नि-क्षय शपथांतल्यान नोंदणी केल्या.

----------------------------------------

Jaishankar

भलायकी सेवा हो मुळावो हक्क आनी विशेषाधिकार न्हय अशें परराश्ट्र मंत्री डॉ जयशंकर हांणी काल म्हळां. काल नवी दिल्लींत जाल्ल्या बाराव्या आंतरराष्ट्रीय भलायकी संवादांत संबोधन करतना डॉ जयशंकर हांणी जागतीक दक्षिणांतले देश अनिश्चीत पुरवण साखळी आनी जागतीक अर्थवेवस्थेच्या अनिश्चिततायेक बंधक उरूंक शकनात अशें स्पश्ट केलें. जागतीक भलायकी सुरक्षे खातीर भारतान दिल्ल्या योगदानाचो उल्लेख करून तांणी सांगलें, पयलो प्रतिसाद दिवपी, उदरगत भागीदार, पुरवण साखळी दुवो आनी भलायकी उपाय पुरवणदार म्हूण भारताची खासा परिस्थितींत म्हत्वाची भुमिका आसा. आयुष्मान भारत भलायकी विमो येवजणे खाला कोट्यांनी नागरिकांक भलायकी सुविधा दितात अशें तांणी सांगलें.

----------------------------------------

PM Das

भारतीय रिझर्व्ह बँकेचे आदले गव्हर्नर शक्तिकांत दास हांची प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे मुखेल सचीव द्वितीय म्हणून नेमणूक केल्या. दास हांची निवड मंत्रीमंडळाचे नेमणूक समितीन मान्य केल्या. १९८० वर्साच्या तमिळनाडू कॅडराच्या बॅचाचो तो निवृत्त भारतीय प्रशासकीय सेवा अधिकारी आसा. दास हांचो कार्यकाळ फुडल्या आदेशा मेरेन प्रभावी थारतलो.

----------------------------------------

Hockey

बायलांच्या एफआयएच प्रो लीग मॅचींत काल भारतान जर्मनी आड 1-0 अशे म्हत्वाचे जैत नोंद केले. भुवनेश्वरांतल्या कलिंग स्टेडियमाचेर जाल्ले मॅचींत भारताची स्टार ड्रॅग फ्लिकर दीपिकान 12 व्या मिणटार पेनल्टी कॉर्नरांतल्यान निर्णायक गोल केलो. पयल्या क्वार्टराक तीन मिनटां उरिल्लीं आसतना पेनल्टी कॉर्नरांतल्यान दीपिकान गोल करून भारताक आघाडी मेळोवन दिली. भारताची फुडली मॅच 24 फेब्रुवारीक नेदर्लंडसा आड जातली. ह्या जैताक लागून भारत पॉयंट तक्त्यात सातव्या क्रमांकाचेर पावला.

----------------------------------------

**Cricket**

**आयसीसी दादल्यांच्या चॅम्पियन्स ट्रॉफीच्या अ गटांत भारत आनी पाकिस्ताना आड खेळटलो. ही मॅच दुबयंत भारतीय वेळा प्रमाण दनपारां 2.30 वरांचेर सुरू जातली. रोहित शर्माच्या फुडारपणा खाला भारतान बुधवारा  बांगलादेशाचेर स विकेटींनि  जैत मेळोवन आपले मोहिमेक प्रभावी सुरवात केली.**

**ह्या सर्तींत ऑस्ट्रेलियेन काल न्यूझीलंडाक हारयलो.**

---

**WPL**

**बायलांच्या प्रिमियर लीग क्रिकेट सर्तींत काल बेंगळुरूंत युपी वॉरियर्सान दिल्ली कॅपिटल्साक 33 धांवड्यांनी हारयलो. यूपी वॉरियर्सान 20 ओव्हरींनी 9 गडे बाद 177 धांवड्यो केल्यो. ताका जाप दितना दिल्ली कॅपिटल्स पंगडाक 19 ओव्हरींनी आनी 3 बॉलांनी फक्त 144 धांवड्यो करपाक मेळ्ळयो. यूपी वॉरियर्स खातीर ग्रेस हॅरिसान हॅट्रीक सयत चार विकेटी घेतल्यो. यूपी वॉरियर्साच्या पंगडा खातीर 23 बॉलांनी 62 धांवड्यो करपी शिनेल हेन्रीक player of the match जाहीर केलो.**

---